गा आमी राखणे

पुंडलीक नायक



1547
P-DEV
PUN

6001547
L: B 02 – R 09 (Dev. G)
2013 G
WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
2013
Ac. No.

गा आमी राखणे

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
2013

अपुरबाय प्रकाशन

कविता

१९७० ते १९७६

गा आमी राखणे

कविता

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
२०१३

पुंडलीक नारायण नायक

अपुरबाय प्रकाशन

GA AMI RAKHANNE

Poems by - PUNDALIK NARAYAN NAIK

प्रकाशन क्र. ४०

© हेमा पुंडलीक नायक

ISH T
P2 Dev
PUN

पयली उजवाडावणी : डिसेंबर १९७६

दुसरी उजवाडावणी : फेब्रुवारी १९९०

उजवाडावपी :

हेमा पुंडलीक नायक
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय, फोंडें - गोंय
४०३ ४०१

G, PUN N90-7

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
2013

छापपी :

हिरू नारायण नायक
अपुरबाय प्रिंटर्स
वळवय, फोंडें-गोंय
४०३ ४०१

मुखचित्र :

श्रीधर कामत बांबोळकार

मोल :

२८ रुपया

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001547

वडाकडल्या
सगल्या
राखण्यांक ...

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
2013

दुसरे आवृत्तेच्या निमतान

श्री. पुंडलीक नारायण नायक हांच्या 'गा आमी राखणे' कविता संग्रहाची ही दुसरी आवृत्ती सुमार १४ वर्सांनी उजवाडा येता.

पयली आवृत्ती छापणावळीचे नदरेन खुबूच सदोष आसली. ते सगळे दोष हे आवृत्तेंत पयस सारपाचो यत्न केला.

पयले आवृत्तेच्या पुस्तकाचो आकार 1/8 क्रावन स्वरूपाचो आसलो. दुसरे आवृत्तेंत तो 1/8 डेमी केला.

श्री. दिगंबर शिंगबाळ हाणी काडिल्लें मुखचित्र पयले आवृत्तेक लाबिल्लें. नवे आवृत्तेक श्री. श्रीधर कामत बांबोळकार हाणी काडिल्लें मुखचित्र लावलां

दुसरे आवृत्तेंत कवीच्यो नव्यो कविता घालूंक नात. दुसरे आवृत्तेचें खाशेलेपण म्हळयार श्री. पुंडलीक नायक हांचे समकालीन आनी सांगाती, कवी रमेश भगवंत वेळुस्कार हांगेलो अभ्यासपुराय लेख, संग्रहाचे निमाणेकडेन छापला. "काळ कळोवणी : पुंडलीक नायकाची कविता समजून घेवपाचो एक दृष्टीकोण" असो ताचो माथाळो आसा. पुंडलीक नायकाच्या साहित्याच्या अभ्यासकांक आनी कोंकणी वाचप्यांक तो उपकारा पडटलो अशी आस्त आसा.

प्रकाशक

मांडावळ

☐ दुसरे आवृत्तेच्या निमतान

१ म्हजो बांगर बैल ९
२ आमी कोण १०
३ म्हज्या घराची वळख १२
४ म्हजी आवय १३
५ आजयेची काणी १४
६ पाडेल्यांनो ... तुमी पाडून चलात १६
७ थाव लागतां लागना १७
८ तुजें येवप ... २२
९ गोरवां २३
१० आतां अशें सदळ रावप ना २४
११ कृष्ण २५
१२ वनवासी २६
१३ दिश्टावो २७
१४ तुक्या २८
१५ अशीं फुलां ओंपताना २९
१६ हांव गरवली ३२
१७ देंठांत तुटिल्ले आमी ३३
१८ कणयों ३४
१९ दाव ३६
२० स्त्राप ३७
२१ हांवच म्हाका ३८
२२ सांवळयो ४२
२३ बळारी ४३
२४ तुजें पत्र पावलें ४४
२५ पेटप रगतांतल्यान ४५
२६ तीन कविता ४६
२७ काल ... आयज ... फाल्यां ४७
२८ गिमाचें मिर्गाक पत्र ४८
२९ पावस ४९
३० दोन कविता ५०
३१ तूं आयलेंना ५१
३२ आज कोण तरी ... ५२
३३ जीण बारावल्या तांची ५३
३४ आडमोड्णार ५४
३५ काळखाची पसय ५५
३६ आंगवण उतरांची ५८
३७ पेणें ५९
३८ ही पालखी भितर घेयात ६०
३९ राखण्यानो ... ६२
४० दर्याचें गीत ६४

☐ काळ कळोवणी : पुंडलीक नायकाची कविता समजून घेवपाचो एक दृष्टीकोण
– रमेश भगवंत वेळुस्कार ६५

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY 2013

चत्राय

पान नं.	वळ	चुकिल्लीं उतरां	अशीं वाचचीं
३१	३	उगसाचीं	उगडासाचीं
३७	२	तट्टली	तट्टटली
५१	१	तूंय आलेंना	तूं आयलेंना
६२	२२	बळळा	बळळा

म्हजो बांगर बैल

एका बांगर बैलान
आतांच दावें तोडलां
गवण मोडून
भल्ल्या गोठ्यांतल्यान ...

बैल उबी दोंड हुपून गेलो
रूखां–झोपां माड्डीत गेलो
शिंगार रगत माखयलें
कपलार तिबे सोबयले.

बैल शिरेर मदेल्लो
बैलान धेंकर गाजयलो
बैलान पागोच बदल्लो.

बैलान जूं शेडायलें
नांगर–गुटे मोडयले
बैलान किरय किरयलें
घट थंय जिरयलें.

कासऱ्या कानयेक बदना –
बैल चेचूंक जमना
बैल विकूंक फावना.

बैलाक म्हज्या किरोंवदी
जाय तसो मिरोवंदी ...

बैल फुडल्या पाडव्या येंवचोना
पुजेखातीर तिश्टचोना
जाय तसो जाय तेन्ना येतलो
शिंगां दाखोवन पुजून घेतलो.

बैल म्हज्या बावन्न कुळांचो उद्धारी
बैल म्हज्या कुळाचो वारस.

आमी कोण

आमी कोण . . .
हाजी जाप तुमकां काळूच दितलो
अशें आमी म्हणचेनात,
ती आमीच दितले.
आमी, आमी न्हय जाल्यार
काडोन वतले
आमचें नांवनिशाण
आमच्याच हातांनी धुवन वडयतले.
वेदनांचो आख्खो दर्या
जाणी मोन्यानी पिवन वडयला ते आमी.
तांबडे मातयेकडचें इमान
जाणी आजून घाणांक दवरूंक ना,
ते आमी.
आमी कोण ?
खंयच्या वाडवडिलांच्या दायजाची
मिरास मिरोवपी तिब्याधनी न्हय.
कोणा दायजी गोत्राच्या पालवान
बोडकां वयर सारपी परधिगे न्हय.
कोणाच्या सोन्यारोटान चटावपी
आमच्यो जिबो न्हय,
कोणाचे पावले चवलेक भुलपी
आमची पावली न्हय.

हीं शिरंतरां पेंचल्यार
भळभळटलो तो तांबडोभडंग रसरस,
ह्या दोळ्यांच्यो मुंडळ्यो फोडल्यार
तातूंत जळटलो तो
मळबाच्या ध्यासाचो वसवस,
ह्या कानाच्या पड्‌ड्यार तोणी माल्ल्यार
घुमतली तो
साता समुद्रां पलतडची गाज.

आमी थोडे उसरां पावले;
पूण उसरां येवपी पावसांत लेगीत
आसता तुफानाचें बळगें.

आमी येंवचे आदीं
जाणी दुर्बळ कुडींतलो रगताचो
निमाणो थेंब पासून खर्शेनासताना घोटलो –
मर्णाच्या निमाण्या खिणामेरेन
जाणी तांका माथ्या वयलें वजें
सकल दवरूंक दिलें ना
त्या समेस्तांक –
गुन्यांव भोगोस . . . . !

खऱ्यांनीच सांगतां,
थाव लागनाशिल्ल्या
ह्या अथांग काळजांत
सुडाची किटाळून उसळना.

आमच्या जल्मावेळार
आवयच्या वेणांचें आंगलें
आमी आंगांत घातलां म्हणून जायत . . .
ह्या संवसारांत येतनाच
खोपीच्या बुराकांतसून
सूर्याचें बींब
आमच्या दोळ्यांक भिडलें
म्हणून जायत. . .

म्हज्या घराची वळख

गायच्या पान्यांची धार
कासांडेंत वाजताली
अशे दुदके सकाळीं
हांवें घर सोडलें.

आंगणांतलो चांफो
उलगवंक नाशिल्लो
पोरसांतले दवा–थेंबे
वाळगूंक नाशिल्ले.

णव्वद वर्सांचो आजो लेगीत
पोल्ल्याचो उठिल्लो
तुळशीक प्रदक्षणा घालताना
बापायच्यो बोरीन बोरी
मेजूंक येताल्यो.

घरवांसो करकरताना
पावलां धजतालीं अशें न्हय
पूण ह्या घराची वळख
कोणांक तरी
करून दिवपाकच जाय आसली.

म्हजी आवय

कण्णो घेवन शेतामदीं
सगळयांच्या देंवतली आदीं
शेवार खेव म्हजी आवय
केन्ना लेगीत करचीना.

भांगरावरी पिकता शेतां
लुंवणेक आवय वतली वोतां
दिसावडचाचें आडांव जायत उणें
खेपले बगर रावचीना.

निवळ नितळ आसत मनां
घोळोंवक दितली आयदनां
अडचत जरी हात कोणां
दोड घेवन वतली तेन्ना.

भोंवतली आवय काजुंनी
मुट्टे पुंजायत वज्यांनी
सांगनासताना बी वळशात
मुट्टो तोंडांत घालूंक मेळचोना.

आसत कोणय वाटसुरो
ताने भुकेन जाल्लो पुरो
ताळो ओलो केले बगर
पावल उखलूंक दिवचीना.

सोयरो जरी आसलो खरो
पिवून जर येत सोरो
दारांत रावन आवय म्हजी
हुंबरो हुपूंक दिवचीना.

आजयेची काणी

थंय आजी तेन्ना
मांडी मोडून काणी सांगताली.
रानांत भोंविल्ल्या सारखो
हात माथ्यांत भोंवतालो.

शेता–बांदार कोले कुयेताले
आजी सांगताली, पावस पडटलो
तेन्ना खऱ्यांनीच दडकेर
नळे वाजताले, पांखें सरसरतालें.

तेन्ना राजकुंवरीक...काणयेंतले
भांगराचे कोंगरे केंस आसताले
तरी आसताना ती न्हाताली
व्हांवते न्हंयेर...तिचो गळिल्लो केंस
त्या ऽऽ राजकुंवराचे गरयेक लागपाखातीर
आनी अचूक फारावतालो.

तोको सदांच तिनसना
मिठाक वयतालो रडत ...
आजी सांगताली, तो मीठ हाडूंक गेल्यार
संवसार बुडटलो ह्या खिणांक; पूण
तो केन्ना पावना.
भिरांत दिसताली तेन्ना
संवसार–बुट्टेची, गळोभर उदकाची.

थंय तेन्ना ती
आजयेची काणी
हांगा आतां ह्यो उवो
केंसा कणकणी.

कोले रडना, कित्याक रडचें ताणी ...
शेतावांद नासताना.
केंस नाशिल्ल्यो राजकुंवरी
न्हाता दिसा उजवडीं लज सोडून
सांठयिल्ल्या कोणांत,
गरवली नासतानां.
तोको मिठाक वचना तरी
संवसार बुडटा चलता बोलताना.

पाडेल्यांनो ...
तुमी पाडून चलात

पाडेल्यांनो ... तुमी पाडून चलात
माथ्यार दिसवडो मारून चलात
फाटीं वळून पळोंव नाकात
कोणें कोणांक नाडलें
कोणें कोणांक बेणले ...

तुमी फकत नाल्ल कोंचले
देंठांतल्यान ...
पेंडी तोडल्यो मुळांतल्यान ...
खंय कितें व्हांवलें
तुमकां कांयच नाका
तुमच्या नितळ मनांक
कांयच खुपूंक नाका.

नाल्लांचे राशीर
कोंसळचें नाल्लांनी
वट्ट रास मेजची
मुंजीच्या चुट्टयांनी
बोंडयान बोंडो तिजून घेवप
वांज मोडक मोखून दिवप
कोणें कोणांक दिवची चीट
वट्ट रक्कम बाकी अदीक देंठ

पिळग्यांचो हिशोब तुमकां नाका
फुडले खेपे कावथो पाडूंक
विसरूं नाकात.

पाडेल्यांनो ...
तुमी पाडून चलात
माथ्यार दिसवडो मारून चलात.

थाव लागतां लागना

१

म्हज्या मलप्या कवडुलांत
एक खंय बावली आसा
म्हाका तुजो दुबाव येता ...

२

कुळागरां वाडली माडी
चड कित्याक घेता धोल
सांबाळ बाये, वचत तोल
कुळागरा वचत मोल.

३

चान्न्याराती
सर्ग भुंयेर,
सुरंगीच्या झाडापोंदा
यादिंचे वळेसर...

४

जिणेचे पलतडीं
विणेचें गीत
सुरांक आज भान ना
म्हाकाच आज हांव ना

५

बसलां तुजी वाट पळयत
केन्ना उदेतलें ...
अस्तेंतेचे रंग
पोल्यार तुज्या घोटयत.

६

म्हज्या काळजार हात दवरून
तूं परमाण जालें.
– तुजेर मोग केलोच ना !
केदी फट ...

७

सांजवेळ . . . . . दर्याविळ
धव्या ल्हारां मोगऱ्यांपटी
खोप्यांत माळून यो गो भेटी.

८

आज भाग्याक मुक्ती मेळून
सभाग्यान माल्लो उल्लो
स्त्रापांतलो उजून हांव
तिज्या ओंठावेलें अमृत पिलों

९

तुजें म्हजें नातें
जोगलावल्ल्या दिठींचे,
केळम्याचे शिवडेंत
भांगर सासणाचें . . ..

१०

रात पांगळी पांगळी
वात सोंपता सोंपना
प्रीत कोंवळी आंवुळी
दिठीं मिठींत धरना
घामाघूम रसातळीं
थाव लागतां लागना . . .

तुजें येवप . . .

तुज्या येवपाक अर्थ आसा
चट्टचा काठाचो,
तुज्या रावपाक सोपूत आसा
तुट्टचा देठाचो.

तुज्या येवपांत
वचकभर आबोल्यांकय
गंध फुटत . . .
पोसोभर चान्न्यातय
खळें भरत . . .

तुज्या येवपांत पैसावत्या अंतराच्यो
कुरवो आसत --
तरी तूं यो.
कारण
तुज्या येवपाक अर्थ आसा . . .
तुज्या रावपाक सोपूत आसा . . .

गोरवां

गोरवां : नाका मुखावयले पायणीन वचपी,
पावलां आशी कुशीक वडयनासतना.
बसल्यार मूस, शेंपडी फापुडपी
(तुमी मुसांक फारान मारशात !)
झुंडीत शिगार शींग आदळटा, हें खबर आसूनय
खड्डयार खड्डो आदळपी खिणांत.
कोण शिरेर मदेल्यार
धा जाणांक उदक दाखोवपी,
फायचें मात येवजिनासताना.
जिरल्या उपरांत खुमखुमी
एके हारीन दोंगर चडपी.
दोंगरआडे हुपून मागीर
आमोरेचे सहजतायेन
सांजपारा घरा वळपी
गेतां गेतां जुळोवन घेवपी (तुमकां जमत ?)
एके गवणींत सोंडां घालून
ऐस-पैस थपकण मारपी
फकत चाबडायिल्ल्याचोच रवंथ करपी.
दिसा उज्वडीं कोण कोणाचेर
चडला जायत शिरेभारान
कोणांकय दिसूंये अनैतिकपणान.
गोरवां शेण हागपी
शेण मस्तुवपी रीतभात नासताना;
पूण तोंडांत केन्ना घालचीना.
गोरवांच्या राज्यांत
गोरवांच्यो वांटो, गोरवांच्यो पायणी
खंयच्या हक्कान, कोणाच्या माथ्यार
तांची जायणी ....

आतां अशें सदळ रावप ना

देवाधर्मी सांगतां,
आमी सदचे वाटेन चलताले
तर हाणीच सांगलें,
ही वाट तुमचे खातीर मेकळी.
तुमी आतां मदींच हात उवारुन घोशणा दिवप ना.

आमी 'आं' म्हणून हात सैल सोडले, तर
मुखार हुपूंक येना असलो दुरीग
शेकानशेक पातळ्ळा.

आमकां घोशणा दिवचीच पडली,
भावानो, हो दुरीग
आमची राखण करूंक न्हय.

कालसांवा शिंवताना
मुखार बुराक दवरलेलेच
तसोच मुतून निखळावन काडलो
दुरगाचो फातरान फातर
तर —
ह्या लख्ख उजवाडांत
वर्सावळीच्या केलेंडराचीं पानां फडफडटाना
हे वाटेची वळख घडटा.

आतां कोणाचेर भरंवसून अशें
सदळ रावप ना.
फुडले खेप आमी
तकल्यो आनी हातांचो गुणाकार करतले
आनी
फकत हाताची मनगटांच जमेंक धरतले.

कृश्ण : १

पणसा-पानां गोरवां
पडवेंतल्या रानां
तानेल्लीं वासरां
उदक पितो वायनां
यशोदेची नदर
कृश्णाल्या पावला . . . .

कृश्ण : २

कोंड अशी यमुनेची
पावलां रेखी राधेची
कानाचे पैलतडी
कृश्ण वेणू सूर काडी
कांठ कृश्ण . . . वाट कृश्ण . . .
कोंड कृश्ण . . . कृश्ण . . . कृश्ण . . .
कृश्ण राधा . . . राधाकृश्ण . . .

वनवासी

कोणे मारिल्ली गा खुंटी
कोणे जोडिल्ली गा मठी
कोणे ह्गतासले गा आतां
चारी वाटां दळीद्र वोतां
कोणे वसयल्लीं गा थळां
तकल्यो शेपडचो हाडून फळा
आतां मठयेचो गा धनी
धांयदिकां असो रानी . . .

दिश्टावो

मन व्हांवलें निर्मळ्ळें
खेद खंत गेली तळा
आत्मो ओपलो ओपलो
भगवंताच्या पांयकमळा
दिव्य दिठयेच्या पावलां
पांडुरंग म्हज्या दोळचां . . .

तुक्या

तुक्या गायितां गायितां
मनां कांसरो गळिला.
नामां और फुटियेलां
तुक्या भिडलो आभाळा
हांवें ताच्या चरणातळा
म्हजो शेजार वर्सायला ...

अशीं फुलां ओंपताना

१

अशीं फुलां ओंपताना
दुबावान पळोंव नये पुजाऱ्यान
गर्भकुडींतल्या सपनांक मागीर
भरदिसा धार वता
जोरगतिच्या भाराचीं
दोळ्यांत मागीर फुलां जातात ...

२

काळाचो कितें भरवंसो ...
जायत हांव
ह्याच खिणाचो उगडासदार.

३.

दोन स्वासांचो मेळ
जालो उस्वासांचो खेळ
अशी खाऱ्या उदका औरां
तळा घुंवले अशे भोंवरां
दोन पैसावल्यो तडी
अश्यो दिठींचे अस्वडी
मागीर स्वासाचींच ल्हारां
स्वासाचींच ल्हारां

४

त्या मोड्णार
नाका गो भेटूंक,
सामकींच आंगार येतात . . .

५

आज तें खंयूय आसूं
ही तांबशिल्ली आमोरी
ताज्या ओंठार अशीच सुजतली . . .

६

तुगेर वचपाची वाट ना कळ्ळी
म्हणून गेलों ना.
तुगेर वचपाची वाट मळ्ळी
म्हणून गेलों ना.

७

जीणेंतली सांज गो म्हजी
झेम झेम झेमेता . . .
उगसाचीं उतरां तुजीं
थेंब थेंब थेंबेता . . .

८

रेंवेंतली पावलां तुजीं
याद काळजान जागयत गेलीं
तुजेठांय म्हजी याद
रेंवेंवयल्या उदकावरी.

९

फुलिल्लीं फुलां गळतपासून
म्हाका फुलां जमोवपाचो
सोस लागला;
पूण फुलां नक्षत्रां कशीं
निखळटात देंठांतल्यान
आनी देंठाचें नातें
आसता खंय काळजाकडेन.

हांव गरवली

हांव गरवली आलतडयां
धार्जण्या पलतडयां
खडपा वयली बसकण
बळारध्यान गरवण
खवळ खवळ खिणांक
आयुश्य घेयन रिणांक
ना विकप ना पावणी
कोणा खातीर गरवणी ?
हड्डचार लाख भोपशीं मिरयन
काळाचें रीण पावयन

देंठांत तुटिल्ले आमी

आमी देंठांत तुटिल्लीं पांचवीं पानां
दर एकल्याक पोट आसता
इतलोच त्या तुटपाचो अर्थ.

आमी खंयचेय वावटोळेंत झिडपचें
धायदिकां शिंपडचें; पूण
तुटिल्ल्या देंठाची जाणीव ही जीण.

वेळाकाळार
आंगांत वाव भरून उडूं येत
इतलीं पावलां मेकळीं आसचीं.

कांय खिणांखातीर
जमचें तुटिल्ल्यांनी रुखामुळांत
देंठांच्या घायांक गवाय दवरून
पोरणीच काणी गावची
थोडीं उतरां अदल बदल करून.

कणयों

१

जिणेंतलो सपना-घांस
रेंवटांतलो उदका भास

२

एकदां मर्ण पळयलें वेंतार
पैस रावतां चार हातांर

३

अणभवाच्या ओंठावेलें
उतर जेन्ना गळटा
रेबकणांतले किडे आमी
काळीज म्हज़ें पेट्टा

४

मानेर जूं घेवनच
मरड – रान पिकयलें
तुज्या उतरा-फाळानच
मन रे म्हजें जगावलें

५

म्हजी भूंय तुजी भूंय
निवलकाण्या घालून वंय,
चार पावलां फोण तुकां
हड्डयार घेवन वतलो खंय...

६

पट्टया पावला
ना भरवंसो
व्हांवत्या व्हाळार
भरचो पोसो

७

गोरवा आसा
पूण
पागो ना
जीण आसा
पूण जैपत ना

८

तुवेंच सांगली
जैतावाट
माल्ली कित्याक
चाटेर चाट

९

तुवें मोखलो व्हाऱ्यार
तेन्नाच पडलों थाऱ्यार

दाव

तिनसांजच्या पारा रंगला
कोयण्यां-वालां दाव
बोंबलेच्या देंठांतल्यान
रोखून घल्ला स्वास
एकूच दाव रंगूं
बाल माथ्यावयल्यान हुपूं
दिसाभरा पुंजो म्हजी
एकाच खिणां फळूं
खोले ऽऽऽ.... ?

स्त्राप

तुज्या धनाच्या पोशांत
म्हजी तट्‌टली आस
सुवार्थाचो स्त्राप
जिणे म्हज्या . . .
खिणां धन्य जाली दिठी
अशी ब्रम्हांडाक मिठी
उगड मूठ धांपले दोळे
जल्म जल्मांचे दुवाळे
पर्थी रखरखुंदी तळी
आतां फुटूं दिरे झोळी . . .

हांवच म्हाका...

१

शिपयांचे धन म्हजें
कुबेराचें राज्य,
काळादाढचे खीण खीण
नाडलो म्हाका आज.

२

पावला पावलाच्या उड्णांक
अशीं आंगावयलीं मोड्णां...
आत्मो असो वज्ररूख,
पानां पानां सपन फुलयत
उजवाडाचें नातें रूजयत.

३

मिर्गाचे पयलेच दडकेंत
मनांतली सपनां
घोडकां जावन किल्ललीं.
आतां पानवल्ले कुडीक
भंय ना.
– दुसऱ्या मिर्गामेरेन
झडत रावन.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
2013

४

तीन दोळ्यांचे कट्टेंत
म्हज्या वेंताची भरण.
पावला पावलाच्या घरावेल्यान
फाल्यांर आयचें मरण
जिवीत खिणयाळें
पूण हांव यात्रीक
अनंताचो.

५

जिणेंतली दनपार
दनपारचो कड
सोंसना;
म्हजीच सांवळी
हांव माड्डीतां
उपाय ना.

६

ह्या अंतराळाच्रो वेध
म्हज्या हाताक गावना
: हें अनंत.
ह्या आत्म्याचो सोद
कांय केल्यार लागना
: ही खंत.

७

पावलांचो मेळ
वाटांचो घोळ
पावलांक वाट सुटना,
घुस्मटला जीव
वीख जालां पिंव
पावलांक वाट फुटना.

८

तूं काळीज नाशिल्लो देव !
हांव जाणां; पूण
म्हाकांय उलोंवक काळीज ना.

९

पाळण्यांतच आमी
मर्णाचे वेध चोखिल्ले.
पावला पावलाचे परंपरेन
काळीज शेकलें भाजलें.
निजाचोच आत्मो खर.
आतां हे मर्णाचे दुवाळे
: किकोंत !

सांवळ्यो

चुडटांच्या आंगां–पांगां
थरथरलीं ल्हारां ...
फुटलें हड्डें दर्याचें
तिनसांजच्या पारा ...
उरफाटचा पावलांच्यो
लांब लांब सांवळ्यो ...
शाकारिल्ल्या मनां
थेंब्या – थेंब्यां पोंवल्यो ...

बळारी

पार्दिकाच्या
देंठापावलांच्यो
वळारी अश्यो
बटमोगरी.
सूर्य अस्तमतना
दर्याच्या गळ्यां
धवीफुल्ल माळ
पिड्डूकांची.
पुनवेचीं रूपां
दडकावलीं ल्हारां-खोपां
मळबांत नातीं
पर्डबिंबलीं.
शिणलेलीं पाखां
निस्ततलीं आतां
नक्षीदार सपनांपावलां
पैस गांवा.

तुजें पत्र पावलें

तुजें पत्र पावलें. तुवें बरयलां –
.... भावनांची उतरावळ आजून घडची आसा.
उतरांकडेन आपालिपा खेळपाची
हालीं तुका संवयच जाल्या.

दमळविरयत मळबांत
आतां तुजीं पावलां, काळजाच्या थेक्यार
भरवंशाची नक्षत्रां जावन
तूं अशें नदरे पैस आसूनय.

पिश्या ..
अशें रडपाचें नासता
धायदिको पेटल्यात म्हूण !
सांजभांगेंत कुकूम भरतल्या
सूर्याक लेगीत
दीस सोंसचो पडटा ...

पेटप रगतांतल्यान

असल्या काळखांत
सूर्याची वाट पळयत
आमी तिश्टुंचेनात,
मनगटार मनगट घासून
केंण पडले बगर
बापायचें स्त्राद्ध वाडचें नात.
पेटिल्ल्याचो गोबोर जाता,
सत हें मानूनय
पेटले बगर रांवचेनात.
. . . . आमच्या रगतांतलो थेंबान थेंब
तिजून घेयात.

तीन कविता

१

सूर्या दर्यांत बुडला
दर्याचे गंभीरतायेची
खर सोदूंक.

२

सय ऋतु गावन गेले
पांचवें गीत सैमाचें
सातव्या ऋतु वाट रेखोत
पाशाण आमी सासणाचे

३

देंठांतल्यान तुटून सूर्या
दर्यांत गळ्ळा,
रातीच्या गर्भवासान
फायचो दीस फळ्ळा.

काल... आयज... फाल्यां

उदेंतेच्या सपनांक
काळखाचें लाशें
चौखुग्ल्या पावलांक
उरफाटे फांशे : काल !

हाताच्या तायटार
सपनांचो गाव
खामसुत्री ह्यांवच
पावलांतूय जाग : आयज !

गडें काय फाडें ?
फाडयाचे आशे !
तरी खळ्यांत शिंवोर
सूर्यफुलां पोशे : फाल्यां !

गिमाचें मिर्गाक पत्र

मोगाळ मिर्गाक –
हांव वतां.
तुजो पांचवो संवसार म्हाका दोळयांत भरून घेवचो आसलो,
पूण तें कोणांक सोसचेना.
ती इत्सा हांगाच पुरुन वतां.
सैम सवे मांडून बसला ते तुजे खातीर
हें हांव जाणां.
देखून मात गणयनासतना वचप चड बरें.
हांव वतना –
दर्याचें उदक लासतलें ...
झाडांचे स्वास अडटले ...
नक्षत्रां पालवतलीं ... तेन्ना तूं –
थंडशीतळ वावाची पावली मारीत यो.
त्या तळपटचा सडचार चार पोशे
ओपून चल; ताणें खूब सोसलां.
घडये तुज्या पावलान ताचे आशेचो गर्भ
फळाक येत.
चड झडूं नाका ... उणो पडूं नाका
तुज्या रावपांत
म्हजो उगडास कोणांक जांवचोना
हाजी जतनाय घे.
आनीक कितें ...
म्हजेखातीर दोन दुकां गळयताना
तोल वचूंक दिव नाका.
तुजो,
गीम.

पावस

पावस ... एक लयबद्ध बंदिशी
पावस ... शिरशिरी रुजोवपी वीज
पावस ... शिरंतरां पेटोवपी चूड
पावस ... स्वास पोसोवपी वीज
पावस ... दुकांची शिस्तबद्ध परेड
पावस ... मनाचे कोंडीतलो एक गंभीर आवाज
पावस ... तुटिल्या देंठाची खंत
पावस ... भुरगेपणांतली चंचळ वृत्ती
पावस... तन्नेपणांतली मस्ती
पावस ... जाण्टेपणांतली पिरंगण

दोन कविता

१

गिमाचें वोत
म्हजे जिणेचें सत
कशें मापचें ...
कशें धांपचें ...

२

मिर्गाचे उले
ओल्यार ओले
चिप्प म्हाका
भिजोवन गेले ...
भिजोवन गेले ...

तूं आयलेंना

तूंय आलेंना –
तशीं न येवपाचीं कारणां खूब आसतात
उतराक जागप ना हेंवूय एक कारण.
तुजी वाट पळयतालों, हें तुका खरें कशें दिसप !
भल्ल्या कळशांत रंगहीन पाणयाची थरथर
तुवें पळयल्या ?
सुक्या पानांर झडटल्या दंवाच्या पावलाक
तुवें केन्ना कान दिला ?
खदखदत्या आदना वयल्या धांपणाची अवस्था
तुवें अणभवल्या ?
तूं आयलेंना.
वऱ्योच गजाली निशेद म्हूण येवजल्ल्यो.
... डायरेच्या अख्ख्या पानार
वळींचो संदर्भ सोडून वांकडचा तिकडचा अक्षरांनी
मनाची अवतिकाय दाखोवं येताली ...
सवन रात बिअरीच्या रंगाक
इनाम दिवं येताली
... मळबांतलें एक एक नक्षत्र
वाडयल्ल्याच्या झोकांत
सिगारेटचीं फिल्टरां पालोवं येतालीं ...
... म्युनिसिपालटीच्या रस्त्याची लांबाय रुंदाय
आंकडयांची भिरांत घेना आसताना
घोशीत करूं येताली ...
... प्रत्येकाच्या घरांतलो ट्रान्झीस्टर
बेसूर करूं येतालो ...
जणा एकल्याच्या पावलांचो ताल
चुकोवं येतालो ...
येवपाचें आसुनय तूं आयलेंना
हें एकेपरीन बरेंच जालें
तुज्या येवपाचें म्हत्व कळळें.

आज कोण तरी ....

हो रस्तो कोणें तरी
आटोवन केला अटूक
रस्त्यार अशीं पावलां घुस्पतात
मेजार कोपांचीं वर्तुळां
एकामेकांत घुस्पुचीं तशीं ....
तशींच उतरां पांयांत पांय घुस्पावन.
मारगा वयल्या विजेच्या खांब्या वयले दिवे
'यस सर' करीत तत्परतायेन ...
रस्ते मदीं मदीं एकामेकाच्या भोकांत
भोकां घालून.
पयस थंय बिल्डींगो .. फस्कांचो दाळार
दाळसो ...
हें मळब अितलें लागीं ... एके देखंलेन
सगळीं नखेत्रां कोंचून घालूं येतात धर्तरेर
कचाकऽऽच.
सगलें चित्रविचित्र.
सेर्त,
आज खंय तरी कोण
पियेला आसूंक जाय.

जीण बारावल्या तांची

तांकां खबरूय ना
तांकां एक शेत आसलें
शेताक मेरो आसल्यो
कांय धरिल्ल्यो, कांय मानिल्ल्यो
एके आमोरेर
लक्षुमिचीं पावलां वाजलीं
सगळयांनी मेजलीं; पूण
कोणें तिजलींना.
ते भरकटत गेले, खरचटलें
पूण कोणें 'हाय' म्हळ्ळें ना
त्या आवाजाचे आमोरेन
तांका आलवातले.
उतराच्या मनशांक
आंकडयांनी मेजताना
ते विसरुन गेले,
आपूण खडपाक जल्मूना म्हूण.
आतां वर्सा सारखे थंय
धोल ताशे वाजतात; पूण
पावलां तालार पडना
जोतां चलतात तीं दिसतात बांदा वयल्यान;
पूण
फाळ रीगना काळजांतल्यान.
मुळावना बीं बियाण,
रोयिल्लें दुबावता तांचे;
जीण बागवल्या तांची

आडमोड्णार

तट्टटीत शिरंतरांतलो
एक आमुरपिको उलो
एका आडमोड्णार ...
(सगल्याच पावलांची फुलां जाल्लीं नाल्यार
पावलां वयल्या रेशांक अर्थुच उरचो नासलो.)
अशीर काळखा-पायण
अंदून पडिल्ली ...
जोरगतेर सुकतेची सुलूस लागची कशी
उकूत्या दोळयांत
एक सांजभांग सोंसची कशी ...
ल्हारां थंड शीळा जावन
शिरंतरां ...

काळखाची पसय

१

हीं दाव्या कोनशाचीं
काळखा - पाळां
आजून हुमटूंक नात.

ह्या सूर्य-पावलांची जाग
अशी अब्ज परार्ध वर्सां पैस.

आमी गा अशे
युगांचे दुखभोगी ...

ह्या काळखा मळबार
उदेवपी काजुल्यांनो,
तुमीच गा जायात,
आमचे खातीर
सासणाचे सूर्यमुखी.

२

ह्रो रूपकारूच सांगता –
ह्या उजवाडाच्या
दर एका किर्णांत
काळखाचें वीर्य आसा.

– आतां जियेवप
कठीण जातलें.

३

ही भांग
काळोख पोसोवचे आदिंची

आतां ही जोरगत
दोनय वाटांक पेलत ?

४

आमचे खातीर धाडून दियात
एक थंड काळखाचो रेफ्रीजिरेटर
ह्यो यादी तिगोवपाक . . .

५

धरनात खंय वाटो अश्यो
उमळ्ळून आयिल्ल्या पावलां खाला.
ह्या वाटांच्या शिरंतरांतल्यान
व्हांवपाचो हिशोब
कोणांक खबर आशिल्लो . . .
दिसा उजवडी
हांवें तुज्या पोशांत काळोख जावप
इतलेंच म्हजें भाग्य . . .
आनी पोसवल्ल्या काळखाक
चुकनात केन्ना
काज्युल्यांची दुकां.

६

सांज-साळकांचीं लागलीं कवाडां
स्वास रोखलेलीं झाडां आयलीं पाडा

धडांधडांतल्यान फुटली उमळ
दिकांदिकांतल्यान सोंशेलें वादळ

अश्व जालीं आतां जोरगतिचीं ल्हारां
फुटूं आयलीं बोंडां सर्ग-सुखा दारां

गळूं आज फिक्या मळबाचें भान
घडूं आज फिक्या काळखाचें दान

आंगवण उतरांची

म्हजी वारूच रुजल्या
अशी उतरांकडेन.
पाचव्योचार तुळशी खुंटून घेवप होंटयेंत :
अशी चकचकयाळ उतरां.

तुमी कितेंय म्हणात –
आंगवणच ती
उतरां रगतांत भिजोवपाची
आनी मांडपाची उक्त्या मळार
पड्टचा पावसांत सुकोवपाक ...

पेणें

इंद्रधनु तोर्ण
उदेंत अस्तेंत
दोन तडींतलें
एक ल्हार जीणें

धिकी धिकी
आमुरपिकी
एकूच पेणें
उखल पालखी

ही पालखी भितर घेयात

ही पालखी भितर घेयात
हें पेणें सजोवन घेयात
तिरकिमटचा शितोडांची
ही भोगावळ न्हय.
मळबभेदी कोंडयांनीच
हीं तोर्णां आंवुळ्ळयांत.
पालखेचे चोंयखांबी,
तुमकां खबर आसा . . .
तुमी मळब तोल्लां.
तुमच्या भुजांची पुण्याय
ह्या मंदिराची सोबाय
कळसाची बुन्याद ...
दारावयल्या जाळवणदारांनो,
हांवें तुमकां मेजून घेतल्या
हांवें तुमकां तिजून घेतल्या
तुमची घरां पळोवन घेतल्यां
नांगर–फाळ पाजून घेतला
हांव ही तांबडी घुडी नाचयतां ....
ह्या भुजांच्या कोळांत
हो रगताचो आवाज
तुमकां आयकूं येना ....?

हे फुगार न्हंयेचो अंत
पळोंव नाकात
ह्या उब्या दर्याची खर
सोदूं नाकात.

आयकात ....
ह्यो घांटी वाजूंक लागल्यो
ह्यो दोंडी फुतफुतूंक लागल्यो
ह्यो न्हंयों मोडूंक लागल्यो
हे दोंगर चंवरूंक लागले

ती पालखेंतली
तिचो आतां शिवासनार
वसपाचो वगत जालो.
आरत्यो म्हणात, चंवरां धाळात
दिमी मोडात, मानो बागयात
नाजाल्यार धडासकट मुळूय वतलें
तुमच्या मनीसपणाची
एक्कूय कुरू उरची ना.
हो पालखी भितर घेयात.

उठात ..
आतां मानो वयर करून पळयात
थंय सर्गार कोणाच्या कितल्या
कुळांचो उद्धार जाला

राखण्यांनो ...

राखण्यांनो . . .
परत एकदां बसात
कांबळी सोडून
ह्या वडामुळांत.
काळजाक हात लावन,
सांगणें करुन गाराणें घालात,
रानाच्या राखणदाराक.

राखण्यांनो . . .
गेल्ल्या पिळग्यांचो
सगळो हिशोब आसा
ह्या वडाच्या हाडांर
कोरांथिल्लो.

राखण्यांनो . . .
ह्या सरयाचे
नितळसाणेक लागून
गोफणीच्या फातरा पैस
बोंबलेक निथू लावन
उंवाळून गेल्लीं बुरुथां . . .
गोफणीचो नेट आनी पीळ
आजून ह्या वडाच्या
आंगा खांदार
बळ्ळा (सुटत वता . . .)

राखण्यांनो . . .
हुस्केच्या ताळयांनी
तुमी खुदयिल्लो देंवचार
" – वयल्या रानां
सकल्या रानां
घूप गे घू ऽ ऽ प. "

भाराच्या भरांत
दोनय मुठींत
कचकचून आंवुळिल्ली
रगताची तान,
ह्या वडाच्या शिरंतरांत
आजून व्हांवत आसा
(निशेत वता . . .)

राखण्यांनो . . .
तुमी गायिल्ली ' ग '
दोंगुल्ल्या – फांतुल्ल्यांच्या
गळ्यांत आसा.
" – ग आमी राखणे
ग तुमी राखणे "
फांतरांच्या चडणां मोडणांचेर
सर्तिच्यो कुरवो आनी
पावलांच्यो वळेऱ्यो आसात.
हार-जैता तिबे आसात
(पुसत वता . . .)

राखण्यांनो . . .
परत एकदां
म्हजे खातीर
तुमचे खातीर
वडा खातीर (पिळग्यां खातीर)
सरया खातीर.
परत एकदां
फटीं सोडून
मांडयेक मांडी लावन
वसात वडामुळांत.
परत एकदा
उबी करात
जाणभास ...
मोडभास ...
म्हज्या राखण्यांनो, म्हज्या राखण्यांनो.

दर्याचें गीत

पलतडयां उले रे
ओ ऽऽ तारी तारया रे
आलतडयां उले रे
ओ ऽऽ तारी तारया रे

आयले तडी मठी ताचे
पयले तडी दोळे रे
पयले तडी राटी ताचो
आयले तडी जीव रे
काम रे घाम रे
दोन तडी दोन रे
मदलेमदीं हुमकळटा
केन्नाच्यान कोण रे

भल्लो शीडां वाव तर
लागीं तुजो गांव रे
ना जाल्यार बसचो सोदीत
दर्याचो थाव रे
दर्यो रे तारयो रे
सरये वयलो नाच रे
दिसले तरी आंवळनात
मर्णाचे पास रे

ओड्टें पाणी थीर जरी
खिणाचो धीर रे
चड्टें पाणी सुस्त जरी
पावता तडी ज्युस्त रे
येंवचे रे गांवचे रे
दर्याचें गीत रे
सुकती रे भरती रे
जिणेची रीत रे

काळ कळोवणी :
पुंडलीक नायकाची कविता समजून घेवपाचो एक दृष्टीकोन

मनांत निर्मून येतल्या प्रत्येक हुंकाराचें रूप आमी समाजाच्या संवकळीच्या आवाजांतल्यान रेखून घेवपाचो यत्न करतात. हे आवाज आमी कुरवांच्या आदारान फोलीर, फोल्यार जांव फातरांत–पत्र्यांत बरोवन दवरतात. म्हणटकूच बरोवपापरसूय त्या उतरांतल्या हुंकाराक म्हत्व चड. तो काळाच्या ज्या खिणाक निर्माण जाता... ज्या खिणाची गर्मी तो घेता, ज्या ऋतुचे स्पंद तो आपणांत अरसोवन घेता आनी ह्या सगळ्यांच्या रसायणांतल्यान निमणे एक उतर अचळय किल्लून येता तें केदें म्हत्वाचें आसता! ताचें म्हत्व केदें मानप ... हांगासर 'मानप' ही भावना म्हत्वाची. ... म्हणटकूच हुंकारलेलें उतर जो आयकता, जो जाणा जावन घेवपाचो यत्न करता तेन्ना उतरांच्या पूर्वरसायणात, आयकतल्याच्या, जांव जाणा जावन घेवपी मनशाच्या मनाचें रसायण मेळटा आनी त्या उपरांत तें उतर त्या त्या मनशाखातीर अदीक उण्या म्हत्वाचें थारता. म्हत्व जांव खंयच्याय गजालींचें नातें आमी सांगपाक वयता तेन्ना सापेक्षता हीच चड म्हत्वाची थारता.

हें सगळें सांगपाचें कारण म्हळ्यार जेन्ना म्हज्या इश्टान पुंडलीक नायकान आपल्या "गा आमी राखणे" ह्या कविता संग्रहाची नवी आवृत्ती येता म्हण म्हाका सांगलें, तेन्ना म्हाकां उमेद तर जालीच आनी ताका हांवें नवे आवृत्तेसंबंदान कांय सुचोवण्योय केल्यो. तातूंत ह्या संग्रहांतल्या कवितांचेर एक लेख बरोवन तो नवे आवृत्तेंत आसपावन घेवचो अशी एक सुचोवणी आसली. तेन्ना पुंडलीकान ही जबाबदारी म्हजेरूच घातली आनी हांवेंय ती खोशयेन मान्य करून घेतली.

पुंडलीकाक १९८४ वर्साचो साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार मेळ्ळो, ते वेळार वास्कोत जाल्ल्या ताच्या सत्कारावेळार हांव ह्या संग्रहांतल्या कवितांचेर उलयलां. पूण हाचेय परस चड म्हणल्यार १९७० ते १९७६ मेरेनचो काळ आमी बरोचसो वांगडा सारला. जेन्ना ही कविता – "गा आमी राखणे" घडटाली तेन्ना तिचें दर्शन खूब्ब लागींच्यान जातालें. कथा, एकांकी अशा दुसऱ्या साहित्यसांच्यांत पुंडलीक आपली साहित्य साधना चलयतालो तेन्ना ताच्यावांगडा चर्चा, वाद जाला. आतांय जातात. हो ७० ते ८० मेरेनचो काळ कोंकणी साहित्याचे नदरेंतल्यान खूब म्हत्वाचो काळ. ह्याच काळांत कोंकणी साहित्य आपली कूस परतितालें. कारण ह्याच काळांत सातत्यान बरयतल्या पुर्विल्ल्या साहित्यिकांच्या वांगडा आपलें अशें खाशेलें साहित्यिक मुल्य घडयत आनीक एक आर्विल्ली साहित्यिक पिळगी निर्माण जाताली. हे पिळगेंतले प्रकाश पाडगांवकार, माधव बोरकार, रमेश वेळुस्कार, एन शिवदास, पुंडलीक नायक, हेमा नायक (धुमटकार,) शीला कोळंबकार, (नायक) दामोदर मावजो, मीना काकोडकार (गायतोंडे), शिवानंद तेंडुलकार (जाणे आपली कविता फुडें काशिनाथ शांबा लोलयेंकार ह्या नांवान पुस्तकाकाराक हाडली) अशे हे गर्भगिरेस्त साहित्यिक. आयजमेरेन ह्या सगळ्या साहित्यिकांनी आपल्या साहित्य प्रकारान साहित्यसंवसारांत आपलेंशें खाशेलें स्थान निर्माण केलां. ताचेवयल्यान पुर्विल्ली साहित्यिक पिळगी आनी आतांची साहित्यिक पिळगी हे आपल्या पूर्वसुरींपरस कशे वेगळे पडटा आनी तेचबराबर ते कशे फुडें वयता हें कळटालें.

हातूंत फक्तूच कविता हें माध्यम घेवन फुडें वचपी आसले ते म्हणजे पाडगांवकार, बोरकार, वेळुस्कार, तेंडुलकार. हांचेमदीं पुंडलीक, शिवदास, हेमा, शीला हीं अदींमदीं कविताय बरोवपी पूण गद्य प्रकार चड बरोवपो. आनी हांचेमदीं पुंडलीक सगळयांत चड कविता बरयतालो, सशक्त कविता बरयतालो. हाची गवाय १९७४ वर्सा पणजेंत जाल्ले धावे अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेंत लोकांक मेळ्ळी. ताचे पयलीं ती आमकां नागेशबाब करमलीच्या मळ्यांतल्या राबित्यांत मेळिल्ली. मावजो, पुंडलीक, शीला, मीना, हेमा ह्या साहित्यिकांनी गद्य साहित्यांतूच चड प्रगती केली.

एका खासा क्रमान साहित्य मुल्यांची वाड जायत वयताली. साहित्यिक माध्यमाचे नदरेंतल्यानूय एक माध्यमिक वाड जाताली देखीक पयलींचें कविता हें माध्यम, फक्त एक चद्रकांत केणी आनी दुसरे दो. दत्ताराम सुखठणकार सोडल्यार सगळयांनीच वापरलेलें. वयाभाव, बाकीबाब बोरकार, र. वि. पंडित, मनोहरराय सरदेसाय, पांडुरंग भांगी, नागेश करमली, उदय भेंब्रो, गजानन रायकार हे सगळेच कवी. हांचेमदीं रवींद्रबाब, केणी, सुखठणकार हाणी गद्यूच बरयलें पूण रवींद्रबाबान कविता बरयल्यात हें खूब लोकांक खबर ना. (अशें म्हणटात आचार्य रामचंद्र शंकर नायकांक खंय कोंकणीच्यो भगल्यो मारतां मारतांच तिच्या भौमानपणाचो साक्षात्कार जायत गेलो. तशेंच रवींद्रबाबाचें कवितेबाबतींत जालें. ताणी कविंच्यो भगल्यो मारपाक म्हूण कविता बरयल्यो आनी स्वतःच कवी जावन गेले) 'इंद्रकार' ह्या नांवान ताणी त्यो हांगा-थंय प्रसिद्ध केल्यात.

ह्या पयल्या पर्वांत पद्याचें म्हत्व आनी संख्या चड आसली. फुडले पिळगेंतूय कवितेक चड म्हत्व उरलेलें. पुंडलीक दोनूय प्रकारांनी तितल्याच प्रभावीपणान बरयत आशिल्ल्या कारणान ह्या सगळयांची दखल घेवप गरजेचें जाता. साहित्य एका खासा क्रमान प्रगत जाता अशें म्हणलेलें ताचें कारणूय हेंच आसा.

आमी जेन्ना खंयच्याय बऱ्या साहित्याचेर चर्चा करतात तेन्ना त्या साहित्यांतल्या मुल्यांच्यो खबरी, चर्चा करतात. कवितेंत तर ह्या मुल्यांचो विकास प्रत्यक्षपणान फुडें वयतना दिसता. गद्याचे बाबतींत ह्या मुल्यांचो आविश्कार फक्त बऱ्या उत्कृष्ट गद्यांतूच दिसता आनी उत्कृष्ट गद्य हें खासा कविताच आसता. मुल्यांचो आपसूक गुणूच तो. पुंडलीकाचे बाबतींत हे काव्यगुणच ताच्या खंयच्याय गद्य प्रकारांतय प्रकर्शान आपलें अस्तित्व दाखयतात. हे नदरेंतल्यान जेन्ना हांव ताचेकडेन पळयतां तेन्ना ताच्या ह्या काव्यगुणांचो एक वेगळोच साक्षात्कार जाता. खऱ्या अर्थान अशें म्हणूं येत की, पुंडलीकान ताच्यांत आसलेल्या काव्य गुणांक गद्याचें स्वरुप दिलां. 'पारज', 'बळार', 'बांबर', 'एका जुंव्यार जंय', 'श्री विचित्राची जात्रा', 'पिपळ पेटला' अशो कितल्योश्योच देखी दींव येतात. खरें म्हटल्यार काव्य होच पुंडलीकाच्या साहित्यनिर्मणेचो आत्मो. हांव म्हणटा तें हें सगळें जरी खरें आसलें तरी सर्वसादारण मनशाक त्या काव्यानंदाचो आनंद दिवपाखातीर येता आसतना तांची कथा, काणी, नाटक हीं माध्यमां खूब्ब बऱ्याक पडटात. तांचो बरो वापर साहित्यांत पुंडलीकांन केलो ही खूब्ब बऱ्याची गजाल.

जण एकल्या बरोवप्याचो, पळोवपाचो खाशेलो असो दृश्टीकोन आसता आनी हाकाचलागून तो जे वस्तुकडेन पळयता तेन्ना ताच्यांत, ताच्या समाजांत आनी ते वस्तींत एक नातें निर्माण जाता. आनी जेन्ना हो पळोवपी आपलें मत दुसऱ्याक सांगता तेन्ना थंय आपसूक सापेक्षता निर्माण जाता. तश्यो संवसारांतल्यो सगळच्योच वस्तू आनी आमी सापेक्ष.

पुंडलीकाकडले सापेक्षतेंत आनी एक म्हत्वाची गजाल सांगप गरजेचें. ज्या काळांत पुंडलीकान आनी ताच्या वांगडच्यानी बरोवपाक सुरू केल्लें तो काळ कोंकणी हचा अस्तित्वाकडें दुभाव खेळपी. जांका साक्षात्कार जातात तेच आपल्यांतल्या स्वत्वाक जागतात. कोंकणी संवेदान दुभावूच चड लोक दाखयताले. ती भास काय बोली हाचेर, जांच्यांत पात्रता ना अशेच लोक चड उलयताले आनी कित्याय कितें मतां मांडटाले. जगार अशी प्रथा कि, जो जे भाशेंतल्यान उलयता तेच भाशेंत अभ्यास करता. कोंकणीतल्यान आमी जगतात पूण शिकनात. कित्याक ? तांतुतल्यान बरयनात कित्याक ?

हें चैतन्यकेण, आमच्या बराबरच्या सगळचाच जाणीवपूर्वक बरोवपी लेखकांमदीं पळोवपाक मेळटालें. हांव पुंडलीक, शिवदास, प्रकाश, माधव हांच्यांत अशो चर्चाय जाताल्यो. शणै गोंयबाब आनी दालगाद हाणी केल्लो वावर पळोवन, हांच्याय पयलीं हांगा थंय कितेंय दिसलें जाल्यार दिसलें म्हूण सोदताले.

संत नामदेवान कोंकणीचो उल्लेख आपल्या लिखाणांत केला हो भाग खूब म्हत्वाचो. कारण नामदेवान खूब देशाटण केल्लें. ताणे पळयिल्ल्या गजालींचें म्हत्व तो वळखल्लो. देखून तो कोंकणी गवळणीक कुशींक दवरूंक शकलोना. आनी हें फक्त नामदेवानूच केलां हें म्हाका खूब म्हत्वपूर्ण दिसतालें. कारण देशाटण करपी मनीस उक्त्या दोळयांनी पळयता. आनी जाच्यात पूर्वग्रह नासता असो भोंवडेकार आपलें मत सरळ मांडटा. मराठी परस कोंकणी जीण वेगळी म्हण ताका जाणवलें आनी ताणे हेर भासांच्या प्रतिनिधी वांगडा कोंकणीकूय स्थान दिलें.

पुर्तुगालांत आसलेल्या ६ व्या शेकड्यांतल्या हस्तलिखीत कोशाचें झेरोक्स रूप पळयल्लें. कोंकणी उतरांबगर खिस्तपुराण आपूण लोकांकडेन पावोवंक शकचोना म्हूण जेजूईत पाद्रीन-टॉमास स्टिवन्सान कोंकणीचे बाबतींत कशें बें म्हणलेलें हाची जाणीव आमकां जाताली. हातुंतल्यान कोंकणीचेर मराठीचो प्रभाव कितलो उणो आसलो हाचीय खबर जाताली. कोंकणी मनशान कितेंय केलें जाल्यार ताका कोंकणी म्हूण कित्याक हिणसायलो मराठी मनशान ? हाचे फाटली तांची सामाजिक, मानसशास्त्रीय कारणां कितें आसूं येतात हाचे बद्‌लूय आमी विचार करताले. एकाद्रो मनीस दुसऱ्या मनशाक हिणसायता कित्याक ? कारण तो स्वताक व्हड अशें मानता म्हूण ? काय जाका तो हीण समजता तो व्हड आसता म्हूण ? आपलें व्हडपण घेवन तो व्हड जायत म्हूण ? नाजाल्यार सर्वसामान्यपणान जगतले जिणेंत हिणसावपाचें कांयच कारण नासता

कोंकणी मनशानी आपले भाशेक भास म्हटली म्हूण मराठी मनशांक आनी मराठी विद्वांनाक दुखपाचो कांयच गरज ना. कोंकणी मनीस एक विधायक विचार मांडून ते प्रत्यक्षपणान काम करपाक लागलेले. महाराष्टांतल्या सगळ्या विद्वांनानी कोणाकूच त्रास दिणे न जावपी अशा कोंकणी मनशाच्या विधायक कामाक कित्याक विरोध केलो हें समजून घेवपाचो उमळशीकूय आमकां लागताली.

कोंकणी संबंदान दुभाव घेवपी लोकांची काकळूटूच आमकां दिसताली. ते भायर आमचेच कोंकणी भाव मराठीक कशे बळी पडटात तेंय पळोवपाक गावलें. पूण ह्या सगळ्या रसायणाचो आविश्कार म्हूण कोंकणी अस्मितायेचें भांगरूच चड रसरसून येतालें. ह्याच बळग्यांतल्यान पाडगांवकार, पुंडलीक, वेळुस्कार, मावजो, मीना, शीला बोरकार अशे तमाम बरोवपी स्वसाहित्यान कोंकणी अस्मितेचो वेगळो आनी आगळो असो आविश्कार दाखोवपाक फुडें येताले. मुक्ततायेचो हो आविश्कार तरांतरांच्या अर्थांनी खरसाणीन पुंडलीकाचे कवितेंतल्यान जाणवपाक लागलो.

जें वास्तव आमच्या सगळ्यांच्याच मुखार आसलें आनी हाका प्रतिक्रिया म्हळ्यार ज्या आमच्या पुर्वजांनी आमचेखातीर चड वावर करून दवरलोना तो वावर आमी आंगार घेवप जे तरेन प्रत्येकाक शक्य आसा तसो प्रत्येक लेखक कवी वावराक लागलेलो. आपणे आपलें अस्तित्व ह्या स्वकामाच्या बळार दखोवपाचें हें काम तितलेंच म्हत्वाचें आसलें पूण हें बरोवप म्हत्वाचें म्हूण समजून बरोवन तयार जावंक ना. हें बरोवन जाल्लें साहित्य, जिणेच्या प्रतिक्रियांचें अपरिहार्यपण. मनांत निर्माण जाल्लो भावनांचो हुंकार. हो हुंकार सामाजिक जिणेतल्यान उतरां घेवन प्रगट जायत वयता. देखून हें सृजनशील संवेदनाचें म्हणजे खासा काळाच्या संवेदनाचे प्रकटीकरण. तें सगळ्या सामाजिक आशयांसयत ..., विशयांसयत, रुपरंगासयत आमच्यामुखार उबें जाता. पुंडलीक नायकाली कविता आमकां हेच नदरेतल्यान समजून घेवपाची आसा.

पुंडलीकाली 'गा आमी राखण्यां"तली कविता सर्वसाधारणपणान आमी तीन वाटयांनी घालतात. जातूंत निसर्ग, मोग आनी हांव जांव आमीच्या वांगडा आसलेलो स्वातंत्र्य मुल्यांचो किंवाटो आड्डून सांगपी कविता. तशें पळोवंक गेल्यार अशें वांटे घालप हें चूक कारण कवितेक जांव साहित्यबंधाक एका थरावीक सांच्यांत समजप हें त्या साहित्यबंधाचें म्हत्व कमीच करपी आसूं येता. त्या अर्थान हे वांटे न्हय. हें इतल्याच खातीर की कविता समजून घेतना हाचो इल्लो उपेग जाता म्हण.

वट्ट कविता समजून घेतना हे तीन वांटे

(१.) म्हजो बांगर बैल, आमी कोण, म्हज्या घराची वळख, आतां अशें सदळ रावप ना, गोरवां, वनवासी, ही पालखी भितर घेयात, राखण्यानो ह्यो कविता सर्वसाधारणपणान स्वातंत्र्यमुल्यांचो उद्घोष करपी कविता. हातूंत हीं मुल्यां सोडून बाकिचीं मुल्यां ना असो अर्थ न्हय. आमी घातलेल्या सगळ्याच वांट्याचो हो स्थितो आसा.

ह्यो सगळ्यो कविता आमी वाचतात तेन्ना आमी आदीं म्हटलेल्या, कोंकणीक दुभावीक नदरेन पळयतल्यांक हें आग्रहान्वें सांगणें. हें मुक्ततायेचें प्रकटीकरण ह्या सगळ्या कवितांची आयट, तातूंत आयल्लीं प्रतिकां, तांतल्यो प्रतिमा, तांचो भास, तांतलो खरसाण आनी अट्टाहास, तांतलो स्वरघोष आयकतल्याक, वाचतल्याक कवितातल्या सगळ्या मुल्यांसयत खिणभर शिरंगारून उडयता. ह्या सगळ्याच कवितांनी आमी कोण हें वेगवेगळ्या तरेन सांगलां.

आतां ह्या कवितांनी आसलेलो आग्रो पळोवया. वाचतल्याक जांव आयकतल्याक ती आपल्या अस्तित्वाचो बोध आग्रहान सांगता. 'म्हजो बांगर बैल' हांतली ही उतरावळ –

एका बांगर बैलान
आतांच दावें तोडलां
□
बैल उबी दोंड हुपून गेलो
□
बैल शिरेर मदेल्लो
बैलान धेकर गाजयलो
बैलान पागोच बदल्लो
□
कासरे कानयेक बादना
बैल चेंचूक जमना
बैल विकूंक फावना.
□
बैलाक म्हज्या किरोंव दी
जाय तसो मिरोंव दी
□
बैल फुडल्या पाडव्याक येंवचोना
जाय तसो जाय तेन्ना येतलो
शिंगां दाखोवन पुजून घेतलो

वयल्या सगळ्या उतरावळींनी पळयलें जाल्यार आमकां कळटा तो किंवाटो. बैल हें प्रतिक. शिवाय हो दांवें तोडपी बैल. ताचे मुक्ततायेचो आग्रो पळयलो. आतां पळोवया – आमी कोण

आमी कोण ...
हाची जाप तुमकां काळूच दितलो
अशें आमी म्हणचे नात
ती आमीच दितले

वेदनांचो आख्खो दर्या
जाणी मोन्यानी पिवन वडयला ते आमी
तांबडे मातयेकडचे इमान
जाणी आजून घाणार दवरूंक ना

'आमी कोण' कवितेंतलो मातयेकडच्या तांबड्या रसरशीत इमानाचो हो आग्रो पळयतकूच आतां :

गोरवां शेण हागपी
शेण मस्तुवपी रितभात नासताना
पुण तोंडांत केन्ना घालचीना

हीं 'गोरवां' हे कवितेंतली उतरां.

आतां कोणाचेर भरवसून अशें
सदळ रावप ना
फुडले खेप आमी
तकल्यो आनी हातांचो गुणाकार करतले
आनी
फक्त हातांची मनगटांच जमेक धरतले.

आतां अशें सदळ रावप ना हे कवितेतलीं उतरां, आपलीं मनगटांच आमकां दाखयता आनी तांतलीं घटसाण, बळगें आपशींच व्यक्त जाता.

'ही पालखी भितर घेयात' हे कवितेंत कवी आपल्या अस्तित्वाचो आग्रो कसो जावन करता, पळयात :

हांव ही घुडी नाचयतां
ह्या भुजाच्या कोळांत
हो रगताचो आवाज
तुमकां आयकूं येना ...

आपल्याक कोण म्हूण समजुंचे, आपूण कोण हाचो सर्वंगी आग्रो आमी पळयलो. ह्याच वयल्या उतरावळींनी आमकां ह्या आगऱ्याची आयटूय आपशींच कळटा ... तरी आसतना पळयात –

हीं शिरंतरां पेंचल्यार
भळभळटलो तो तांबडो भडंग रसरस,
ह्या दोळयांच्यो मुंडळ्यो फोडल्यार
तातूंत जळटलो तो
मळबाच्या ध्यासाचो वसवस
ह्या कानाच्या पड्डयार तोणी मारल्यार
घुमतली ती
सातां समुद्रां पलतडची गाज

ह्या उतरांतले भाशेची आयट कितली रसरशीत तें आमकां आपशींच कळटा. हे भाशेक तुऱ्याच्या फुलाची गच्चसाण आसा. पाचव्याचार सैमाची जीवसाण आसा आनी भर रानांत कच्च करून आपलें दर्शन प्रदर्शनीय करपाची तांक आसा.

आतांमेरेन आमी उतरायल्ल्या ह्या पुंडलीकाच्या उतरांतली स्वरसंवेदना पळयात. ती मुक्त तर आसाच पूण तिका आपलीं अशी आंदोलनां आसा आनी ती वाचतल्याचे स्वरतंद्रेक आपशींच खेम घालता.

कोंकणी साहित्याक अनवळखी पूण जिणेच्या रसणांत धगधगपी अशो, तट्टटीत प्रतिमा "गा आमी राखण्यांत" वचत थंय पातळ्ळ्यात. बैल शिरेर मदेल्लो, हीं शिरंतरां पेंचल्यार भळभळटलो तो तांबडो भडंग रसरस, आमच्या जल्मावेळार आवयच्या वेणाचें आंगलें घातलां म्हूण जायत, अशे दुदके सकाळीं, नाल्लाचे राशीर कोसळचें नाल्लानी; वट्ट रास मेजची मुंजीच्या चुट्टयानी, आमी देठांत तुटिल्लीं पाचवीं पाना, हो रस्तो कोणेतरी आटोवन केला अटूक, आमी गा अशे युगांचे दुःखभोगी, ..कोंकणींत सशक्त प्रतिमा निर्माण करपी प्रमुख लेखकांमदीं पुंडलीकाचें नांव आपशींच रूज़ू जाता.

"गा आमी राखणे" ह्या संग्रहांतली कविता तरांतरांच्या प्रतिमांनी उलयता. 'राखणे' हें प्रतीक सांबाळून दवरतल्याचें, 'बांगर बैल' हें प्रतीक शक्त आनी मुक्ततायेचें. 'घर' हें प्रतीक जिवितांतलें आपलें अस्तीत्व दाखोवपी, घर म्हणटकूच मनीसपण आनी आदारसत्काराचे प्रतीक, गृहस्थ धर्माचे प्रतीक, 'पालखी' हें सांस्कृतीक दायजाचें प्रतीक. प्रतिकांच्या माध्यमांतल्यान उलोवप सर्वस्पर्शी जाता, ज्युस्त जाता. पुंडलीकाच्या ह्या प्रतिकां प्रतिमांनी दुभावाचे बांद तर मोडल्याच तेचवरावर एक काव्यात्म आनी साहित्यिक घटसाणूय तयार केल्या.

हे सवन चर्चेंत घेतल्ल्या कवितांनी आमकां एक गजाल कळटा कि, बांगर बैल दावें तोडटा आनी तो दोंडी हुपपाक मुक्त जाता. तो जाय तेन्ना येता आनी शिगां दाखोवन पुजून घेता. बैस पाडच्याक येवपाक तयार आसना कारण पाडव्याक येवप म्हटल्यार कोणाचे तरी नेम मानप. नेम मानप म्हटल्यार कोणाचें तरी बंधन मानप. बांगर बैलाक असलें बंधन नाका आसता. तो तोडटा तें बंधन कसलें ? सामाजीक बंधन, सांस्कृतिक बंधन, भाशीक बंधन, मानसीक बंधन, राजकीय बंधन ... तमाम अर्थांचे बंधन तोडपाचें काम बांगर बैल करता.

'आमी कोण' हे कवितेंत आमच्या मनांत कितें शिजता हें कळटा. मनाच्या रसणाचो आविष्कार ही कविता घडयता. मनाच्या प्रामाणिक स्पंदनाचो हो हुंकार.

'म्हज्या घराची वळख' कवितेंत घर कित्याक सोडप ? तर ह्याच घराची वळख लोकांक 'दतलो जाल्यार घरांत रावून तें जमपाचें नासता. घरांतल्यान भायर सरून तें सगळ्यांक सांगप गरजेचें जाता आनी घर सोडपूय गरजेचें जाता. घर सोडटना जायत्यो गजाली ताका ओडटा पूण तो फाटीं सरना.

गोरवां राखणे गोरवांक जेवटेन व्हरता तेवटेन तीं वचपी आसतात तांचे जिणेचें हें म्हत्व आसता. तीं शेण मस्तुपी आसतात पूण शेण खावपी मात नासतात. आपल्या सभावाचें चोखपण मोखून मारपी 'गोरवां' ही कविता.

वयर चर्चेक आयल्ल्यो ह्यो कविता काळाची गरज म्हूण निर्माण जाल्ल्यो. काळाक ताची जाप विचारपी आनी जाप दिवपी म्हूण निर्माण जाल्ल्यो. आपले अस्तीत्व दाखोवपी, आपली शक्त दाखोवपी आनी ह्या सगळ्यावयर आपल्या कर्तूबातल्यान आपुणूच शक्त घेवपीय. आपल्या लिखलिखपी तासानी ही कविता साहित्याक मेळटा आनी सवन साहित्याचोच दर्जो वाडटा. हांगासर साहित्य म्हणटना म्हाकां फक्तूच कोंकणी साहित्य असो अर्थ अभिप्रेत ना आनी हेचखातीर हे कवितेचें म्हत्व व्हड.

तशें पळोवंक गेल्यार साहित्याचें काम जाप दिवपाचें न्हय. पूण जेन्ना कांय अप्रबुद्ध, स्वताक शाणे समजूपी कांय अन्नाडी, स्वताक साहित्यिक समजून प्रश्न विचारतात तेन्ना तांकां समजावप गरजेचें जाता. म्हणुनूच साहित्याकूय केन्ना केन्ना जाप दिवंची पडटा. नायजाल्यार साहित्य आपल्या काळाच्या स्पंदनाचो उद्घोष करता. देखून काळाच्या स्पंदनातल्यान खंयच्या खंयच्या गजालींचे पदर घेवन ही उतरावळ येता हाचो सुक्षिमपणान अभ्यास करप गरजेचें आसा.

(२.) अशें धरूंया की, प्रत्येक कविता हें काळाचें स्पंदन. पूण हें काळाचें स्पंदन काळाच्या एका वांटचान घेतलेलें. प्रत्येक उस्वासाबराबर आयल्ले प्रतिक्रियेंतल्यान स्पंदीत जाल्लें म्हूण प्रत्येक कवितेक जांव साहित्य प्रकाराक कविचें वा लेखकाचें वैयक्तिक आंगलें आसता. हें आंगलें ताचें वेगळेंपण आसता. पुंडलीकान निसर्गीक कविता बरयली, मोगाची कविताय बरयली आपल्या खाशेलपणासयत.

पार्दिकाच्या
देंठापावलांच्यो
बळारी अशो – बटमोगरी

□

मिर्गाचे उले
ओल्यार ओले
चिप्प म्हाकां
भिजोवन गेले
भिजोवन गेले

□

पावस... मनाचे कोंडीतलो एक गंभीर आवाज
पावस... तुटिल्ल्या देंठाची खंत
पावस ... भुरगेपणांतली चंचळ वृत्ती
पावस ... तन्नेपणातली मस्ती
पावस... जाण्टेपणातली पिरंगण

□

देंठांतल्यान तुटून सूर्या
दर्यांत गळ्ळा
रातीच्या गर्भवासान
फायचो दीस फळ्ळा

□

हो रूपकारूच सांगता
ह्या उजवाडाच्या
दर एका किर्णांत
काळखाचें वीर्य आसा.

सैमान पुंडलीकाक कसो केळयला तें ह्या कवितांनी कळटा. सैम आमकां केळयता देखुनूच आमी साहित्यांत ताका केळवंक शकता. पावसाचें व्यक्तिमत्व आमी आमच्या सभावाच्या आधारान कशें रंगयतात तें पळोवपाक मेळटा. देंठातल्यान तुटपी सूर्या स्वताकूच दुसऱ्या दिसाखातीर कसो निर्माण करता. ते खातीर काळखाच्या गर्भवासाची गरज तो घडयता. मिर्गाचे उले, ओले चिप्प भिजयतात.

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001547

ही भांग
काळोख पोसोवचे आदिंची

गांवगिऱ्या जिणेतल्यान सैम सुंदर तरेन आमचे मुखार येता. देखून तें अचूक जावनूय येता. कविता अचूक जाव्न येता. सैमाची कविता अशें म्हणटना परत . . . बरयतलो कितलो ? दर्शनीय सैम कितलें ? आनी बरयतल्याचेर सैमातल्यान निर्माण जाल्ली प्रतिक्रिया कितली ? सगळ्याच कवितांच्या संबंधान हे घटक Complex अशें आसता. ह्याच खातीर खंयचेय कवितेक निखटी निसर्ग कविता, मोग कविता . . . वा अशें कितेंय म्हणप समा जायना.

पार्दिकाच्या
देंठापावलांच्यो
बळारी अशो - बटमोगरी

पारजताचें फूल, उडटली बळार आनी तिचीं पारजती देंठाळ दोकलां . . . बटमोगरी . . . अशा चित्राच्या पुनरनिर्मितींत आनंद आसा. फुलांची तुस्त आसा. फुलांची आवड आसा. रंगसंगतीची जाण आसा. येद्या व्हडल्या विश्वरंगातल्यान ही उतरावळ जल्माक येता. दुसऱ्याक भुलयत ती येता. हे खातीरूय पुंडलीकाच्या निसर्ग कवितांक एक आगळीच तांक येता.

(३.) जिणेच्या वेगवेगळ्या आंगांक स्पर्श करपी अशी कविता पुंडलीकान ह्या संग्रहांत ग्रथीत केल्या. ताचेवांगडा मोगावयल्या कवितांक एक वेगळेंपण आसा. वेगळेपण, कविता वेगळेतरेन मांडपाचें. मोगाचो अणभव आपलेपरीन घेवपाचें. 'तुजें पत्र पावलें' कविता –

तुजें पत्र पावलें. तुवें बरयलां –
. . . भावनांची उतरावळ आजून
घडची आसा.
उतरांकडे आपालिपा खेळपाची
हालीं तुका संवयूच जाल्या.

भावनांची उतरावळ मोगांत नाच्च जाता. कारण जेन्ना मोग तेंगशेर पावता अशा खिणाक उलोवपूच नासता. पूण जेन्ना मोगाचें पयलेंच पत्र पावता तेन्ना सगळेंच तन्ने आसता आनी भावनाकडे खेळटना उतरांकडेन आपालिपा खेळपाची संवंय जाता. प्रेयसिच्या वर्णनापरस भावनाचो आविष्कार ही कविता करता. ही आनी एक कविता –

तूं आयलेंना
तशी न येवपाचीं कारणा खूब आसतात
उतराक जागप ना हेंवूय एक कारण
तुजी वाट पळयतालों
हें तुका खरें कशें दिसप ?

येवपाचें आसुनूय तूं आयलें ना
हें एकेपरीन बरेंच जालें
तुज्या येवपाचें म्हत्व कळ्ळें

आपल्या वेगळचा सभावाखातीर वाचतल्यांक जांव आयकतल्याक ही कविता भुलोवन वयता. जिणेतल्या वास्तवाक ती स्पर्श करता. मोगांत मोगी, कल्पनेक चड म्हत्व दिता. पूण हांगासर 'तुजी वाट पळयतालो हें तुकां खरें कशें दिसप' ह्या उतरांनी कितलो तळमळीन वाट तो वा ती पळयता हे कळटा. वाट पळयत रावप, ताणे वा तिणे न येवप .. हांतल्यान येवपाक कितलें म्हत्व आसा .. येवपाची कितली गरज आसा, येवपाची कितली उमळशीक आसा तें तर कळटाच पूण व्यक्त जावपांतली सहजताय कवितेचें मोल चड वाडयता.

पुंडलीकाचे कवितेचो हो विचार जालो. पुंडलीकाची कविता समजून घेवपाचो एक दृष्टीकोन तुमचेमुखार मांडलो. आतांफुडें तिचो अभ्यास कसो करचो हें हांव तुमचेकडें सोडटां.

रमेश भगवंत वेळुस्कार

पाळें - गोंय
२६/११/१९८९

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
2013

LIBRARY
WORLD KONKANI CENTRE
Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on

1547
P→Dev.
Prem

Gr

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: गा आमी राखणे
(कविता)
Ga Ami Rakhanne

YEAR: 1990

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ________________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

अपुरबाय
प्रकाशन

"हे सवन चर्चेंत घेतलेल्या
कवितानी आमकां एक गजाल कळटा कि, बांगर बैल
दावें तोडटा आनी तो दोंडो हुपपाक मुक्त जाता. तो जाय तेन्ना
येता आनी शिगां दाखोवन पुजून घेता. बैल पाडव्याक येवपाक तयार आसना
कारण पाडव्याक येवप म्हटल्यार कोणाचें तरी नेम मानप. नेम मानप म्हटल्यार कोणाचें तरी
बंधन मानप. बांगर बैलाक असलें बंधन नाका आसता. तो तोडटा तें बंधन कसलें ?
सामाजीक बंधन, सांस्कृतिक बंधन, भाशीक बंधन, मानसीक बंधन,
राजकीय बंधन ... तमाम अर्थाचें बंधन तोडपाचें काम
बांगर बैल करता."

रमेश भगवंत वेळुस्कार